# गोंयांत 8 ऑक्टोबराक  राष्ट्रीय रेड रन इव्हेंटाचे आयोजन

ता. 18 ऑगस्ट 2023

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालया खालच्या राष्ट्रीय एड्स नियंत्रण संस्थेवतीन 8 ऑक्टोबर 2023 दिसा  गोंयांत राष्ट्रीय रेड रन चे आयोजन करपात येतले. सर्त सोपले उपरांत इनामां वाटपाचो कार्यक्रम जातलो. विविध म्हाविद्यालयांचे विद्यार्थी, स्वयंसेवी संस्था आनी विविध सरकारी खात्यांचे अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित रावतले.

कार्यक्रमाच्या तयारीचेर चर्चा करपा खातीर संबंदीत अधिकारी आनी प्रतिनिधींची जोड बसका हालीच पर्यटन भवन, पाटो, पणजी हांगा गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संस्थेचे प्रकल्प संचालक डॉ. गोकुळदास सावंत हांच्या अध्यक्षतेखाला जाली. राष्ट्रीय एड्स नियंत्रण संघटनेचे उपसंचालक श्री उत्पल दास, यूथ विंगच्यो  उपसंचालक श्रीमती पारुल सिंग तशेंच हेर राज्य सरकारी अधिकारी ह्या बसकेक उपस्थित आशिल्लें.

रेड रन सर्त 10 कि. मी अंतराची आसतली आनी विविध राज्यां आनी संघप्रदेशांतल्यान तीन विजेत्यांची निवड करतले. राज्यांतले सर्वसामान्य लोक आनी विद्यार्थ्यां खातीर दोन किलोमीटर धांवपाची सर्त आसतली. .

युवकांमदी एचआयव्ही/एड्स दुयेंस, जुवानपणातली भलायकी, मानसीक भलायकी आनी हे भलायकीच्या प्रस्नांचेर जागृताय करपाच्या उद्देशान  हो उपक्रम आयोजीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/646

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.